मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम आनी पालकांची लागणूक

उदय भेंब्रे

7020
Gen Dev
UDA

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) ★
Mangaluru

7020
Gen→ Dev
UDA

मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम
आनी
पालकांची लागणूक

उदय भेंब्रे

MULLAVYA XIKXANNACHEM MAD'DHYAM ANI PALAKANCHI LAGNNUK

[Medium of Instruction at Primary Level and the Obligation of Parents]

© किशोरी उदय भेंब्रे

'लक्ष्मी-प्रभा', लास पाल्मस
हावर्सींग एस्टेट, घोगळ,
पोस्ट फातोड्डें, गोंय - 403 602

उजवाडावणी : 23 जून 2017

उजवाडावपी :
नारायण रा. मावजो
'राम-कमल', डिस्ट्रिक्ट कोर्टा लागीं,
पोरणो बाजार, मडगांव, गोंय- 403 601

छापपी :
बांदेकार ऑफसेट
कुडचडें-गोंय

मोल : 10.00 रुपया

हे पुस्तिकेंतलो विशय पांच लेखांनी 'भांगरभूंय' दिसाळ्यान 2017 वर्साच्या फेब्रुवारी-मार्च म्हयन्यांनी उजवाडाक हाडिल्लो. ते लेखमाळेंतली बरपावळ 'भांगरभूंय'च्या बरेपणान हे पुस्तिकेच्या रुपान उजवाडायल्या.

'झोपी गेलेला जागा झाला' ह्या नांवाचें एक विनोदी नाटक मराठी रंगभुंयेर खूब गाजलां. बबन प्रभू हे त्या नाटकाचे लेखक. नाटकांतलें एक सवंग ते स्वता करताले. त्या काळांत दादल्यांच्या 'टायट पॅण्टा'ची फॅशन चलताली. नाटकांतल्या एका अंकांत बबन प्रभू हेर कांय जाणां वांगडा दुसऱ्या एका कुटुंबाक भेट दिवंक वतात. थंय पावतकूच येजमान सालांत सगळ्यांक येवकार दिता आनी बसात म्हणून सांगता. हेर सगळे बसतात. पूण बबन प्रभू उबेच रावतात. येजमान आनीक एक दोन फावटी तांकां बसपाची विनवणी करता. तरी बबन प्रभू बसनात. येजमानान चवथे खेपे विनवणी करतकूच बबन प्रभू फुतफुतून तांकां सांगतात. 'हांवें टायट पॅण्ट घाल्या. बसलो जाल्यार ती कुल्यार पिंजतली. ते खातीर उबो रावतां. तुमी आग्रो करतात म्हणटकूच एक पांय सोफाच्या हाताचेर दवरून उबो रावतां.' आनी ते दाव्या पांयाचें पावल सोफाच्या हाताचेर दवरून उबे रावतात!

गोंयांत मुळावें शिक्षण इंग्लीश भाशेंतल्यान दिवपाचो विशय जेन्ना जेन्ना चर्चेक येता तेन्ना तेन्ना म्हाका त्या नाटकाचो उगडास जाता आनी टायट पॅण्ट घालून उबे राविल्ले बबन प्रभू नदरे मुखार उबे रावतात. तांची ती टायट पॅण्टीची फॅशन; आमची हांगा इंग्लिशीची फॅशन! कुल्यार टर्र जावपाचो भंय दोनूय फॅशनीं मर्दीं आसा.

शिक्षणीक वर्स सोंपत येता तेन्ना जीं भुरगीं शाळांनी पयले यत्तेंत प्रवेश घेतात तांच्या पालकांनी शाणेपणान निर्णय घेवपाचो वेळ येता. खंयचे शाळेंत प्रवेश घेवचो आनी खंयच्या माध्यमांतल्यान शिकचें हें भुरगीं थारायनात; तांचे पालक थारायतात. एके भाशेन ते भुरग्यांच्या फुडाराची बुन्याद घालतात. भुरगें शिक्षण पूर्ण करूंक पावतलें काय ना; तें शिक्षणांत हुशार जातलें काय ना; तें आपल्या पांयांर उबें रावन कर्तृत्वी नागरीक जातलें काय ना; ताचो बौद्धीक तसोच ताच्या आंगांतल्या गुणांचो विकास जावंक पावतलो काय ना; आनी ताचो फुडार पर्जळीत जातलो काय ना हें खूबशें पालक घेतात त्या निर्णयांचेर आदारून आसता. पालक चुकले जाल्यार ताचे परिणाम भुरग्याक भोगचे पडटात आनी मागीर पालकांक पश्चाताप जालो तरी ताचो कांयच उपेग नासता.

आपल्या भुरग्यांचो फुडार पर्जळीत जावचो अशें सगळ्याच पालकांक दिसता; पूण सगळ्यांचेच निर्णय योग्य आनी शाणेपणाचे आसतात अशें मात नासता. कांय पालक विचार करून, जाणकारां कडल्यान समजून घेवन योग्य निर्णय घेतात. पूण अशेय पालक आसतात जे अज्ञानाक लागून वा गैरसमजाक लागून वा फॅशनीक बळी पडून चुको करतात आनी ज्या भुरग्यांचें तांकां बरें जाल्लें जाय आसता त्या भुरग्यां मुखार ते अडचणींचो आनी आडखळींचो दोंगर उबो करतात. एक विशय जंय गंभीर चूक जाता तो म्हणल्यार शिक्षणाचें माध्यम. त्या विशयांत शिक्षणीक सिद्धांत फाटीं पडटा, संवसारान मानून घेतिल्ली रीत फाटीं पडटा, शिक्षणतज्ञ आनी बालमानसशास्त्रज्ञ जें ताळो सरांटून सांगीत आसतात ते व्यर्थ वता आनी अविचारान आपणायिल्ली फॅशन माथ्यार बसता -ते टायट पॅण्टीचे फॅशनी भाशेन.

गोंयांतली वेवस्था

गोंयांत धावे मेरेनचें शिक्षण दोन तरांनी चलता. एक तरा अशी की पयल्यो चार यत्ता (मुळावें शिक्षण) भुरगें मायभाशेच्या माध्यमांतल्यान शिकता. हें भुरगें चार वर्सां इंग्लीश भास एक विशय म्हणून शिकता.

आनी पांचवी धरून धावे मेरेन तें भुरगें इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकता. ही मांडणी ह्या लेखांतल्या पयल्या तक्ट्यांत दाखयल्या.

पयलो तक्टो

यत्ता	माध्यम	खाशेली तजवीज
धावी	इंग्लीश	
णववी	इंग्लीश	
आठवी	इंग्लीश	
सातवी	इंग्लीश	
सवी	इंग्लीश	
पांचवी	इंग्लीश	
चवथी	मायभास	एक विशय इंग्लीश भास
तिसरी	मायभास	एक विशय इंग्लीश भास
दुसरी	मायभास	एक विशय इंग्लीश भास
पयली	मायभास	एक विशय इंग्लीश भास

दुसरी तरा दुसऱ्या तक्ट्यांत दाखयल्या तशी आसा. हे मांडणेंत भुरगें पयली धरून धावे मेरेन इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकता. हे वेवस्थेंत खूबशीं भुरगीं इंग्लीश भाशेचो वापर करपी पूर्व प्राथमीक शाळांतल्यान येतात. असल्या भुरग्यांचें शिक्षण आरंभा सावन इंग्लीश भाशेंतल्यान जाता.

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) Mangaluru

दुसरो तक्टो

यत्ता	माध्यम
धावी	इंग्लीश
णववी	इंग्लीश
आठवी	इंग्लीश
सातवी	इंग्लीश
सवी	इंग्लीश
पांचवी	इंग्लीश
चवथी	इंग्लीश
तिसरी	इंग्लीश
दुसरी	इंग्लीश
पयली	इंग्लीश

ह्या दोनूय तरांची तुळा केली जाल्यार आनी लाब वा लुकसाण हाचें गणीत मांडलें जाल्यार खंयची तरा भुरग्याच्या हिताची हें थारावप सोपें जाता. हें आमच्या देशांत शिक्षणतज्ञांनी केलां. सरकारांनी स्थापन केल्ल्या समित्यांनी आनी आयोगांनी केलां आनी शिक्षण ह्या विशयाचो अभ्यास जांणी जांणी संबंदीत शास्त्रांच्या आदारान केला तांणी तांणी तें उखलून धरलां. केंद्रांतल्या सरकारांनी राष्ट्रीय शिक्षण धोरणांत ताचो आस्पाव केला. आमच्या देशान कितेंय वेगळेंच केलां अशेंय न्हय. आख्ख्या संवसारानूय तेंच केलां; तोच सिद्धांत मानून घेतला.

आतां चिकित्सा करुया दोनूय तरांची. ते चिकित्से वरवीं दोनूय तरां मदलें अंतर स्पश्ट जातलें.

चिकित्सा आनी तुळा

पयल्या तक्ट्यांत जी मांडणी दाखयल्या ते मांडणे प्रमाण भुरगें मुळाव्या पावंड्यार, म्हणल्यार पयली ती चवथी ह्या चार यत्तांनी,

मायभाशेच्या माध्यमांतल्यान शिकता. ह्या पावंड्यार भुरग्यांची पिराय 6 तीं 10 वर्सां अशी आसता. हें भुरगें फकत भास वा भासो शिकना; तर भाशेच्या माध्यमांतल्यान हेर विशयांचेंय गिन्यान मेळयता. हे कंवळे पिरायेर ताका सभावीक रितीन येता ती ताची मायभास. ती भास शुद्ध कशी बरोवची, सारकी कशी वाच्ची आनी योग्य उच्चारांनी कशी उलोवची हें तें भुरगें शिकता. आनी ताका सभावीक रितीन जी भास येता ते भाशेच्या माध्यमांतल्यान तें हेर विशय शिकता. हाचे कांय मोटे लाब आसात. भुरगें आपलेच भाशेंतल्यान शिकता म्हणटकूच शिक्षक जें शिकयता तें समजुपाक ताका सोपें जाता. गिन्यान योग्य रितीन ताचे मतींत वता. प्रस्नांक जापो दिवप वा जें जाणा तें सांगप, मत वा भावना व्यक्त करप हें ताका सापें जाता. ताचे मुखार भाशेची अडचण उरना.

मुळाव्या पावंड्यार हें भुरगें मायभाशे भायर इंग्लीश भासूय एक विशय म्हणून शिकता. ही भास तें चवथे यत्ते मेरेन, म्हणल्यार चार वर्सां, शिकता. ताका लागून पांचवे यत्तेंत जेन्ना मायभाशेचे सुवातेर इंग्लीश भास शिक्षणाचें माध्यम जाता तेन्ना ताचेर संकश्ट येना; तो बदल तें सुलभ रितीन करूंक पावता. दुसरें, मायभास सारकी बरोवंक, वाचूंक आनी उलोवंक येतकूच हेर खंयचीय भास शिकप ताका सोपें जाता. इंग्लीश भास तें बरे रितीन आत्मसात करूंक पावता आनी फुडें, धावे मेरेन ताका इंग्लीश माध्यम म्हणून वापरूंक मेळटा. कांय पालकांचो गैरसमज आसा की मुळावें शिक्षण मायभाशेंतल्यान घेतलें जाल्यार भुरगें इंग्लीश भाशेच्या विशयांत फाटीं उरता. खरेपणीं, इंग्लीश भास बरे तरेन आत्मसात करपाक ताका सोपेंपण मेळटा.

कांय शिक्षणतज्ञ असले मांडणेक 'द्विभाशीक शिक्षण' म्हणटात. म्हणल्यार, मायभाशेच्या माध्यमाचे बुन्यादीचेर उबें आशिल्लें परदेशी भाशेच्या माध्यमांतलें शिक्षण. ह्या संदर्भांत ते बेल्जियम देशांतल्या शिक्षणाची देख दितात. थंयची थळावी भास फ्लॅमीश आनी आपणायिल्ली परदेशी भास फ्रँच. गोंयांत आसात तश्योच दोन तरा त्या देशांत आसात.

कांय भुरगीं मुळाव्या पावंड्यार फ्लॅमीश माध्यमांतल्यान शिकता[illegible] आनी उपरांत फ्रँच माध्यमांतल्यान तर कांय भुरगीं आरंभा सावन फ्रँच माध्यमांतल्यानूच शिकतात. शिक्षणतज्ञांनी ह्या दोनूय तरांनी शिक्षण घेवपं विद्यार्थ्यांचे प्रगतीचो अभ्यास केला. तांणी निश्कर्श काडला तो असो कं जीं भुरगीं द्विभाशीक शिक्षण (आदीं फ्लॅमीश आनी उपरांत फ्रँच) घेतात तं फकत फ्रँच भाशेंतल्यान शिक्षण घेवपी विद्यार्थ्यां परस चड हुशार जातात, अदीक फुडें पावतात. गोंयांतल्या हिंदू समाजांत मुळावें शिक्षण मराठींत घेवपाची आनी पांचवेक सावन इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकपाची परंपरा आसली आनी आयजूय आसा. आदीं कोंकणी माध्यमांतलें शिक्षण नासलें. गोंयचे सुटके उपरांत तें सुरू जालें. पूण मराठी भास कोंकणीक लागीं आशिल्ल्यान परदेशी भाशे परस ती लागींची जाली. ते परंपरेंत शिक्षण घेतिल्ले शेंकड्यांनी डॉक्टर, इंजिनियर, आर्किटॅक्ट, वकील, प्राध्यापक, शिक्षक, उद्देजक, वेपारी आनी हेर वेवसायीक आयज गोंयकार समाजांत वावुरतात. कांय जाण इंग्लीश भास शिकयतात, इंग्लीश भाशेंतल्यान हेर विशय शिकयतात, वकिली करतात तर कांय जाण इंग्लीश भाशेंतल्यान साहित्य रचतात. ते परंपरेक लागून आपलें लुकसाण जालें अशें म्हणपी एकलोय मनीस म्हाका तरी अजून मेळूंक ना.

संस्कृतायेचो आयाम

मुळाव्या शिक्षणा फाटलो हावेस साध्य जातलो जाल्यार तें शिक्षण मायभाशेच्या माध्यमांतल्यान जावंक जाय अशें आमचोच देश न्हय तर आख्खो संवसार कित्याक मानता तें आदीं सांगलां. मायभाशेंतल्या शिक्षणाचे लाब खूब आसले तरी शिक्षक जें शिकयता तें भुरगें सोपेपणीं समजूंक पावता आनी जें ताका कळ्ळां तें व्यक्त करतनाय, तें तितलेच सोपेपणीं करूंक पावता; आनी हे प्रक्रिये वरवीं भुरग्याचो बौद्धीक विकास सभावीक रितीन जाता हो मुखेल लाब. भुरग्याच्या शिक्षणीक फुडाराचे नदरेन तो खूब म्हत्वाचो.

पूण मायभाशेंतल्या मुळाव्या शिक्षणाक आनीक एक आंग आसा. तें

आंग संस्कृतायेचें. मायभाशेंतलें शिक्षण भुरग्याक देशी संस्कृतायेंत आपले पांय रोमून रावपाक आदार दिता आनी ते उदेशीं देशी संस्कृतायेची राखण जावंक पावता. देशी संस्कृताये कडली भुरग्याची नाळ तुटना; ताका न्यूनगंड बादना आनी आदीं भुरगें वा विद्यार्थी म्हणून तर उपरांत नागरीक म्हणून तें स्वाभिमानान संवसारांत वावरूंक पावता. देशी संस्कृतायेची राखण जावंक पावता. पयले सुवातेर, ताका मायभास बरे तरेन उलोवंक, बरोवंक आनी वाचूंक येता. हे भाशेच्या आदारान भुरगें थोडेशे यत्न करून हिंदी आनी हेर कांय देशी भाशा शिकूंक पावता. तो आनीक एक लाब थारता. आमच्या भोवभाशीक देशांत एके परस चड भासो येवप ही फायद्याची गजाल.

चड भासो जाणा जाल्ल्या मनशाक बौद्धीक, साहित्यीक आनी सांस्कृतीक उदरगतीचीं आनीक कितलींशींच दारां उक्तीं जातात. भाशेक कोण संस्कृतायेची बुन्याद म्हणटात जाल्यार कोण संस्कृतायेचें वाहन म्हणटात. खंयचेय परिस्थितींत भास संस्कृताये पसून वेगळावंक जायना. देखून देशांतली संस्कृताय तिगून उरतली जाल्यार देशी भासो तिगून उरूंक जाय; त्यो घटमूट जावंक जाय. हें घडून येवपाचें एक म्हत्वाचें क्षेत्र म्हणल्यार शिक्षणाचें क्षेत्र. आतां, ''आमच्या देशाक संस्कृताय ना वा भारत हो आमचो देश अशें आमी मानिनात आनी भारतीय संस्कृताय म्हणून कितेंय आसलेंय जाल्यार तिचे कडेन आमचो कांय संबंद ना; आमी 'ग्लोबल सिटिझन' ; इंग्लीश ही एकूच भास आमकां पुरो ; संस्कृताय आमचें पोट भरिना'' अशें म्हणपी कोणूय आसले जाल्यार तांचें बरें जावं; तांकां तांच्या मार्गान वचूं दी. पूण ज्या भारतीय नागरिकांक आपल्या देशाचो आनी देशी संस्कृतायेचो अभिमान आसा तांचें राष्ट्रहिता विशींचें कर्तव्य भुरग्या खातीर शिक्षणाचें माध्यम थारायतनाच सुरू जावपाक जाय. हें अशें रशिया, जर्मनी, फ्रान्स, चीन, जपान, इझ्रायल, इंग्लंड, स्पेन ह्या आनी हेर कितल्याशाच देशांनी घडटा. हें आमच्या देशांतल्या भोवतेक राज्यांनी घडटा.

ह्या राष्ट्राभिमानाक आमीच आडवाद थारतले? ''अजीब हैं ये गोव के लोग'' हेंच आमी परतून परतून सिद्ध करतले?

गैर समजणी

गोंयांत दुसरी तरा चलता ती भुरग्याक आरंभा सावन इंग्लीश भाशेच्या माध्यमांतल्यान शिक्षण दिवपाची. शारांनी आनी मोट्या गांवांनी केजी शाळांचें पीक आयलां. खंयचोय आडवाद सोडलो जाल्यार ह्या केजी शाळांनी इंग्लीश भाशेचो वापर जाता. हेरशीं ह्या किण्डर गार्टन (केजी) शाळांनी शिकोवपाचें नासता; पूण चडश्या शाळांनी शिक्षणाचो आरंभ करतात. म्हणटकूच, माध्यम इंग्लीश आसता अशें म्हणूंक जाता. भुरगें अडेच वर्सांचें जातकूच पालक ताका केजींत धाडटात. उपरांत त्या भुरग्याक इंग्लीश माध्यमाचे शाळेंत घालतात. मदीं शिक्षण सोडलें ना जाल्यार हें भुरगें धावी मेरेन इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकता.

पालक अशें करतात ताका वेगवेगळीं कारणां आसतात. केन्ना शाळा लागीं आसा हें कारण आसता. केन्ना हाडपा-व्हरपाक शाळेची बस आसा हें; तर केन्ना नांवलोकीक आशिल्ली शाळा हें कारण आसता. कांय पालकांक आपलीं भुरगीं गिरेस्त वा उच्च मध्यमवर्गांतल्या भुरग्यां वांगडाच शिकिल्लीं जाय आसतात; जाल्यार कांय जाणांक इंग्लीश माध्यम म्हणल्यार 'स्टेटस सिम्बॉल' दिसता! आनिकूय कारणां आसूं येतात; पूण चडश्या पालकांचो समज आसता की इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकतकूच भुरगें हुशार जाता, 'स्मार्ट' जाता! भुरगें सडसडीत इंग्लीश उलयलें जाल्यार तें हुशार जालें अशें पालक समजतात. केजी शाळेंत भुरगें 'बा बा ब्लॅक शीप' वा 'लंडन ब्रीज इज फॉलींग डावन' असलीं इंग्लीश गितां शिकता. तीं गावन दाखयतकूच पालक ताका तोखेतात. कोडू सत्य अशें आसता की त्या भुरग्यान 'ब्लॅक शीप' पळयिल्ली नासता. आनी 'लंडन ब्रीज' म्हणल्यार कितें हेंवूय ताका खबर नासता. तें आयकून आयकून गीत पाठ करता आनी शिकयलां तशें म्हणटा. शिकचे सुवातेर, समजून घेवचे सुवातेर तें फकत पाठ करता. दुसऱ्या उतरांनी

सांगचें जाल्यार तें पोपटपंची करता आनी मुळाव्या आनी माध्यमीक शिक्षणाच्या मळार पोपटपंची होच त्या भुरग्याचो मुखेल आदार जाता. हाचें कारण, ती भास ताची मायभास नासता; ताच्या परिसराची भास नासता; ती भास तें भुरगें घरा-दारांत उलयना वा आयकना. बाजारांत उलयना वा आयकना, खेळामळार उलयना वा आयकना. परिणामीं, ते भाशेंतल्यान समजून घेवप ताका कठीण जाता आनी ते भाशेंतल्यान प्रकटीकरण करपाची तांक नासता.

बौद्धीक विकासाचे नदरेन भुरगें फाटीं उरता. कांय पालक सडसडीत (फ्लुएण्ट) इंग्लीश उलोवप हें बुद्दीचें वा हुशारेचें लक्षण अशें समजतात. तें खरें न्हय. तें सडसडीतपण संवयेंतल्यान वा संवकळींतल्यान येता. हांव मुंबय विद्यार्थी आशिल्लों त्या काळांत गोंयांतलीं कांय बायलां पारशी कुटुंबांनी आया म्हणून काम करतालीं. सांजवेळचीं तीं भुरग्यांक घेवन पासयेक भायर सरतालीं. भुरग्यां कडेन तीं इंग्लिशींतल्यान आडखळनासतना उलयतालीं. तांचे मदलीं कोणूच शाळेंत वचूंक नासलीं. घरांत दिसपट्टी इंग्लीश आयकून आनी उलोवपाचो यत्न करून तांकां ते भाशेची संवकळ जाल्ली. ती भास तांकां बरोवंक वा वाचूंक येनासली.

इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकिल्लें भुरगें हुशार वा स्मार्ट जाता हो भ्रम. मुळचेंच हुशार आशिल्लें भुरगें आडखळी हुपून आपली हुशारी दाखयता. पूण सर्वसामान्य भुरगें घुस्मट्टा. बुद्द आनी गूण आसुनूय तें फाटीं उरता. ताचें कारण उक्तें आसा. भुरग्याक संवकळ नाशिल्ले भाशेंतल्यान शिक्षक जें शिकयता तें सगळेंच ताका सारके कळूंक पावना. आनी जें थोडें कळटा तें उक्तावपाक जी भास, जी उतरावळ जाय आसता ती ताचे कडेन नासता. देखून तें घुस्मट्टा आनी मागीर परिक्षेंत पास जावपाची वाट म्हणून पाठ करपाचो मार्ग आपणायता. तें जें पाठ करता आनी पाठांतराच्या आदारान बरयता तें ताका समजल्लें नासता. हें शिक्षण न्हय. हातूंतल्यान गिन्यान वाडना; विद्यार्थ्याच्या व्यक्तीमत्वाचो विकास जायना. इंग्लीश माध्यमांतल्यान कांय हुशार आनी स्मार्ट भुरगीं

फुडें सरतात; पूण चड प्रमाणांत आमी कीर आनी किरांट्यो निर्माण करतात.

इंग्लीश आनी भ्रम

माध्यमीक आनी ताचे फुडल्या पांवड्यांचेर इंग्लीश भास बरी येवची आनी शिक्षणांत भुरगें फुडें सरचें हे खातीर मुळाव्या पावंड्यारूच आमी भुरग्याक इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकयतात असो एक मुद्दो कांय पालक मांडटात. शिक्षणतज्ञ आनी बालमानसशास्त्रज्ञ मुळाव्या शिक्षणाच्या पावंड्याक कित्याक म्हत्व दितात तें हे पालक समजून घेनात वा समजून घेवंक सोदिनात. हांगा भुरग्याची पिराय म्हत्वाची आसता. मुळावे शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांची तुळा महाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यां कडेन करूंक जावची ना. ते तज्ञ सांगतात ते बुन्यादी विशीं, कंवळे पिराये विशीं. तिसरे वा चवथे माळये विशीं न्हय. बुन्याद घट नासत जाल्यार तिसरे वा चवथे माळयेची शाश्वती कोण दितलो! दुसरें, सैमाचे कांय नेम आसतात तेवूय हांगा लागू जातात. निकतेंच जल्माक आयिल्ल्या भुरग्याक दूद दितात. आवयचें दूद उत्तम मानतात. पियेवपा सारकें खूब आसता. च्या आसता, काफी आसता, पॅप्सी आसता, कोका कोला आसता, बियर आसता आनी व्हिस्कीय आसता. भुरगें व्हड जातलें तेन्ना हातूंतलीं कांय पेयां वा सगळीं पेयां पियेतलें पूण फुडाराक तें पियेतलें म्हणून आरंभाक दितात व्हय? फुडाराक तें नुस्तें खातलें, मास खातलें, पिझ्झा खातलें आनी बर्गरूय खातलें. हें खाण दोन म्हयन्यांच्या, चार म्हयन्यांच्या वा स म्हयन्यांच्या भुरग्याक दितात व्हय? डॉक्टर तशें करूंक दीत व्हय? मागीर शिक्षणाच्या मळार त्या क्षेत्रांतलो 'डॉक्टर' सांगता तेंच कोयराच्या बल्लांत कित्याक उडोवचें?

भास म्हणून इंग्लीशीक कोणाचो विरोध ना. शिक्षणांत इंग्लीश आसची न्हय अशेंय कोण म्हणिना. आयच्या युगांत इंग्लीश ही एक म्हत्वाची भास. आमकां उंचेलें शिक्षण इंग्लीशींत घेवचें पडटा; वेपार-उद्देगांत इंग्लीशीचो वापर चलता, आमचो राजकारभार, न्यायपालिकेचो वेव्हार

इंग्लीशींत चलता. देखून इंग्लीशीची गरज आसा. देशा भायर वतात तेन्नाय ती जाय पडटा. ते भाशेच्चेर प्रभुत्व आसप फायद्याचें आसता. हें सगळें खरें; पूण ते खातीर इंग्लीश भाशेक मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम करपाची गरज ना. कोणूच फकत चवथी मेरेन शिकूंक शाळेंत वचना. उण्यांत उणी मोख आसता ती एसएससी मेरेन शिकपाची. म्हणटकूच स वर्सां इंग्लीश माध्यमाचीं मेळटात. तर मागीर भुरगें इंग्लीशी पसून पयस कशें उरता? इंग्लीशींत अज्ञानी कशें उरूं येता?

संवसारीक धोरण

शिक्षण आनी शिक्षणाचें माध्यम हांचे संबंदान संवसारांतल्या हेर देशांनी कितें चलता तेंवूय पालकांनी समजून घेवपाची गरज आसा. इंग्लंड वा अमेरिका ह्या देशांनी शिक्षणांत, राजकारणांत आनी वेपार-उद्देगांत इंग्लीश हीच भास चलता; कित्याक ती त्या देशांची भास. पूण फ्रान्स, स्पेन, पुर्तुगाल, जर्मनी, रशिया, चीन, जपान, इटली ह्या आनी हेर कितल्याशाच देशांनी शिक्षणाच्या मळार इंग्लीश भाशेक कसलेंच स्थान ना. थंय सगल्या पावंड्यांचेर शिक्षण त्या त्या देशाचे भाशेंतल्यान जाता. जर्मनीक वचून कोणूय भारतीय मनीस शिक्षण घेतलो जाल्यार ताका जर्मन भास शिकची पडटा. हीच गजाल रशियेक वचून शिकतल्यांक करची पडटा- म्हणल्यार रशियन भास शिकची पडटा. जपानांत मायक्रोसॉफ्ट कंपनीच्या कचेऱ्यांनी सगलें काम जपानी भाशेंत जाता. जगांतल्या बऱ्यांतल्या बऱ्या टॅक्निकल इन्स्टिटयुटां मदलें एक इझ्रायलांतलें 'टॅक्नियॉन' नांवाचें इन्स्टिटयूट. थंय शिक्षणाचें माध्यम हिब्रू भास. म्हणटकूच इंग्लीशी बगर जायना हें फट. आमच्या देशांत इंग्लीश आयली ती ह्या देशांतल्या लोकांची गरज म्हणून न्हय. आमचो देश देडशें वर्सां ब्रिटिशांची वसणूक म्हणून जगलो आनी ब्रिटिशांनी शिक्षणाचें इंग्लिशीकरण केलें म्हणून. पुर्तुगेजांनी गोंयांत मुळाव्यो शाळा सुरू केल्ल्यो त्यो पुर्तुगेज भाशेच्या माध्यमांतल्यान. वसाहतवाद्यांचें धोरण तें. 1684 वर्साच्या कायद्यान तांणी कोंकणी भास नानपश्चात करपाचो यत्न केल्लो; पूण ती तिगली. मराठीय तिगून उरली.

अशें आफ्रिकेंतल्या भाशां संबंदान घडलें ना. आंगोला आनी मोझांबीक ह्या आदल्या पुर्तुगेज वसाहतींनी आनी आज स्वतंत्र आशिल्ल्या देशांनी थळाव्यो भासो आसात. पूण शिक्षणाचें माध्यम आनी राजकारभाराची भास म्हणून अजून पुर्तुगेज भास शेक गाजयता. भारतांत वसणुकवादाच्या काळांत इंग्लीश भास कांय मळांचेर रिगली आनी राणी जावन बसली. पूण ते खातीर तो वसणुकवाद आजूय तसोच चलोवंक जाय अशें ना. उंचेलें शिक्षण देशी भाशांतल्यान दिवप अशक्य ना. आज तें चिके कठीण आसत. प्रयत्नांतल्यान तें चित्र बदलूंक येता. पूण उरफाटे दिशेन वचून मुळाव्या शिक्षणाचेंय माध्यम इंग्लीश करप ही वसाहतवादी मानसीकताय. जांकां स्वातंत्र्य आनी स्वराज्य हांचें मोल कळटा तांणी तरी ते फॅशनीचे बळी जावंक फावना.

वायट परिणाम

मुळाव्या पावंड्या वयल्या इंग्लीश माध्यमांतल्या शिक्षणा विशीं गोंयकार समाजांत आशिल्लो भ्रम हाचे आदीं सांगला, त्या भ्रमाचे बोमाडे सरभोंवतणी आतऱ्या-पयऱ्यान फुट्टात ते आमकां दिसतात. पूण फॅशनीचें बळ इतलें आसा की फुडलो आपटून पडलो तरी फाटलो शाणो जायना. चड गंभीर गजाल म्हणल्यार मुळाव्या पावंड्या वयल्या इंग्लीश माध्यमांतल्या शिक्षणाचे कांय वायट परिणाम जातात. हे परिणाम शिकपी भुरग्यांक बादतात. तांच्या कुटुंबांक बादतात आनी राष्ट्राकूय बादतात.

एक परिणाम असो : ज्या हावेसान पालक भुरग्याक शाळेंत धाडटात तो हावेस पूर्ण जायना. भुरगें शिक्षण अर्द्यार सोडटा. हें अर्द्यार शिक्षण सोडप कांय खेपो मुळाव्या पावंड्यारूच जाता; जाल्यार कांय खेपो माध्यमीक पावंड्यार जाता. हे परिस्थितीक भुरगें जबाबदार नासता. पालकांनी केल्ले चुकीचे परिणाम तें भोगता. इंग्लीश भाशेची इल्लीय वळख वा संवकळ नाशिल्ल्या भुरग्याक एकदम इंग्लीश वातावरणांत व्हरतकूच तें शेणिल्ले भाशेन जाता. कांय भुरगीं ल्हवू ल्हवू ती आडखळ हुपतात. पूण हेरांक तें जमना. जें शिकयतात तें तांकां समजना. प्रस्न

विचारतकूच जाप दिवंक येना. ताचेर ताचो गुन्यांव नासतना, 'ढ' असो छाप बसता आनी ताका शिक्षकांचीं उलोवणीं खावचीं पडटात. जातासर भुरगें सोंसता आनी जायना तेन्ना शाळाच सोडटा. कांय जाणां माध्यमीक पावंड्यार शिक्षण सोडटात ताचेंय मुळावें कारण तेंच आसता. मुळावे शाळेंत तें कशेय तरेन दीस काडटा आनी चवथी यत्ता पास जाता. पूण शिक्षणांत तें फाटींच आसता. माध्यमीक पावंड्यावयलो अभ्यास ताका झेपना; तें लजेक पडटा आनी एक दीस शाळा सोडटा. इंग्लीश भाशेंत असल्या भुरग्यांक 'ड्रॉपआवट' म्हणटात. आमच्या समाजीक आनी राजकी मळांचेर अशीऽऽ नदर मारून पळयल्यार कितलेशेच 'ड्रॉपआवट' दिसतले. हेर कारणांय आसूं येतात; पूण तांकां शिक्षणीक सिद्धान्ता प्रमाण, शिक्षणतज्ञ आनी बालमानसशास्त्रज्ञ हांणी घालून दिल्ल्या शास्त्रा प्रमाण शिक्षण मेळना हें मुखेल कारण आसता. आनी तशें घडलें जाल्यार पालकांकूच न्हय तर कुटुंबाक तें संकश्ट थारता. लोकां मदीं समाजकंटक निर्माण जातात ते असल्याच वाळेस भुरग्यां मदल्यान.

दुसरो परिणाम हो : इंग्लीश ही गोंयकार भुरग्याची मायभास नासता आनी सवंकळीचीय भास नासता. ताका लागून समजून घेवपाक तें फाटीं पडटा आनी जें जाणा तें प्रकट करपाची शक्त ताका नासता. हाची जाणविकाय शिक्षकांक आसता. तीं हाचेर दोन उपाय करतात:

पयल्या उपायांत शिक्षक शाळेच्या वाठारांत भुरग्यांचेर फकत इंग्लीशींत उलोवपाची सक्ती करतात. तीं आपले मायभाशेंत वा हेर खंयचेय देशी भाशेंत उलयत जाल्यार तांकां दंड घालतात. दंडाक वा हेर तरेचे ख्यास्तीक भियेवन भुरगीं मोडकी-फुटकी इंग्लीश उलोवंक लागतात. कांय जाणां उपरांत आपली इंग्लीश सुधारतात, पूण जीं सुदारूंक पावनात तांची इंग्लीश मोडकी-फुटकीच उरता. भुरग्याक तोंड उक्तें करचें अशें सांगपाक कोणूय आवय 'आं डू बाबा' म्हणटा तेन्ना ती इंग्लीश मोडकी-फुटकी आसता. आवय जाली तरी तिची इंग्लीश तशीच उरता. जाल्यार भुरगेपणांत आनी तरणेपणांत ते इंग्लीशीची दशा कशी

आसतली जायत हाचो अदमास करूं येता. हे तांबडे इंग्लीशीचो विशय सोडलो जाल्यारूय त्या उपायाचो आनीक एक गंभीर परिणाम आसा. तो उपाय भुरग्याच्या मनांत आपले भाशे विशीं न्यूनगंड निर्माण करता. ती उणाक, ती चारचौगांत उलोवपाची न्हय, ती टाळूंक जाय अशें ताका दिसूंक लागता आनी तें तशें वागता. ही वागणूक मागीर फकत भाशे पुरती उरना. जें जें देशी तें तें उणाक आनी जें जें परदेशी तें तें उंचेल्या दर्ज्याचें अशी समजणी करून घेवपा इतलो ताचो न्यूनगंड वाडटा. तातूंत मागीर संस्कृताय येता, समाज येता, राज्य येता आनी राष्ट्रूय येता.

दुसऱ्या उपायांत शिक्षक पालकांक आपोवन व्हरतात आनी भाशे विशीं कांय सुचोवण्यो करतात. भुरग्याक इंग्लीश भाशेची सवंकळ जावची, ताका ती इल्ली इल्ली समजूंक लागची, इल्ली इल्ली उलोवंक येवची हे खातीर घरांत आवय-बापायन आनी हेरांनी ताचे कडेन इंग्लीशींतूच उलोवचें अश्यो सुचोवण्यो आसतात. शाळांतल्या वर्गांनी, आंगणांनी बी इंग्लीश भाशेंतूच उलोवपाचो निर्बंध तांणी घाल्लो आसताच; ह्या सुचोवण्यांक लागून घरांतलीय भास इंग्लीश जाता. भुरग्याच्या वांट्याक एक कृत्रीम जिणें येता. असलें कृत्रीम जिणें भुरग्याचे सभावीक वाडीक आनी बौद्धीक उदरगतीक कसलोच आदार दिना; उरफाटें, तें ते वाडीक आनी उदरगतीक आडमेळीं हाडटा. दुसरें, जीं आवय-बापूय इंग्लीश उलोवंक जाणात तीं उलयतात; पूण जांकां तें जमना तांचें कशें? आनी तांच्या भुरग्यांचें कशें?

दुखण्या परस वखद मारेकार

ह्या दोनूय उपायांक लागून भुरग्याचें मायभाशे कडलें नातें तुट्टा. आनी भास ही संस्कृतायेची बुन्याद. म्हणटकूच ल्हवू ल्हवू भुरग्याचें ताचे निजाचे संस्कृताये कडलें नातें तुट्टा. तें संस्कृतीभ्रश्ट जाता. ताका एकूय देशी भास सारकी उलोवंक, वाचूंक वा बरोवंक येना; ताका देशी संस्कृतायेची, इतिहासाची आनी कर्तुत्वाची वळख करून घेवपाची इत्सा जायना; आनी वळखूच ना थंय अभिमान कसो आसतलो! हें

ुरगें व्हड जाता तेन्ना तें भारतांत जल्माक आयिल्लें 'ग्लोबल' नागरीक जाता! हांगा 'ग्लोबल' म्हणल्यार संस्कृतायशुन्य आनी अस्मितायशुन्य, कसलीच 'आयडॅण्टिटी' नाशिल्लें मनीस!

हो परिणाम राष्ट्रहिताक बादिकार जाता. संस्कृतीभ्रश्टपण हें तितल्यारूच थांबना. तें वाडत वता आनी देशभ्रश्टपणाच्या सोंपणार देंवता. हो नवो विचार न्हय. खूब वर्सां आदीं तो डॉ. त्रिशतांव ब्रागांस कुन्य हांणी 'डिनॅशनलायझेशन ऑफ गोअन्स' ह्या आपणाल्या पुस्तकांत प्रभावी रितीन मांडला. संस्कृतीभ्रश्ट मनीस देशभ्रश्ट जाता ते प्रक्रियेची वर्णना तांणी केल्या आनी गोंयच्या इतिहासांतल्यो देखी दिल्यात. डॉ. कुन्य हांणी वर्णना केल्या ती आनी देखी दिल्यात त्यो पुर्तुगाली राजवटकेंतल्यो. ते राजवटकेंत आदीं बळजबरी जाल्ली आनी मागीर ती जिणेची रीत जाल्ली. आज आमी स्वतंत्र आसात आनी स्वराज्य भोगतात. पूण कितलेशेच पालक त्या सोळाव्या-सतराव्या शेंकड्यांतले मानसीकतायेंतल्यान भायर सरूंक नात अशें खंतीन म्हणचें पडटा. आज बळजबरी ना; कांय जाण आपखोशेन संस्कृतीभ्रश्ट आनी फुडाराक देशभ्रश्ट जावंक सोदतात. आदीं वसणूकवाद्यां कडेन बोट दाखोवं येतालें. आज तशें करूंक मेळना. ते खातीर ते समर्थनां सोदतात. तीं पटपा सारकीं नात. पूण मुळाव्या पावंड्यार इंग्लीश भास शिक्षणाचें माध्यम आसप हें राष्ट्रहिताक मारेकार हे विशीं मात कसलोच दुबाव उरना.

संक्रांत सानू हांचे निश्कर्श

'दी इंग्लीश मीडियम मीथ' नांवाचें एक पुस्तक 2014 वर्सा उजवाडाक आयलां. 'भारत भाषा नीति, एक नई सोच' अशेंय नांव त्या पुस्तकाक दिल्लें आसा, पूण पुस्तक इंग्लीश भाशेंत आसा. तें संक्रात सानू हांणी राजीव मल्होत्रा आनी कार्ल क्लेमेन्स हांच्या सांगातान बरयलां. 'सिन्नॅमॉनटील पब्लिशींग' हे प्रकाशन संस्थेन तें उजवाडाक हाडलां.

संक्रांत सानू हे कानपूर आयआयटीचे तशेच अमेरिकेंतल्या टॅक्सास विद्यापिठाचे पदवीधर आसात. बरींच वर्सां तांणी मायक्रोसॉफ्ट हे कंपनींत

जनरल मॅनेजर म्हणून काम केलां. आतां उद्देजक म्हणून वावुरतात आन लेखन करतात. तांच्या नांवार टॅक्नोलॉजी पेटण्टां आसात. मायक्रोसॉफ कंपनीच्या कामा निमतान ते साठ देशांनी पावले. भास, शिक्षणाचें माध्यम अर्थकारण आनी राष्ट्रहीत ह्या विशयांनी आस्था आशिल्ल्यान जंय पावले थंयचे परिस्थितीचो तांणी अभ्यास केलो. तेच भाशेन, हेर देशांनी कशें वेवस्था आसा तें पळोवपाक म्हायती मेळयली. अशे तरेन केल्लो अभ्यास आनी आपणाले अणभव हांच्या आदारान तांणी शिक्षणाच्या माध्यमा विशीं चिकित्सा केल्या; शिक्षणाचें माध्यम म्हणून भारता सारक्या देशांत इंग्लीश भास वापरतकूच ताचे कशे परिणाम जातात, आनी जे देश आपलीच भास ही शिक्षणाचें माध्यम आनी राजभास म्हणून वापरतात त्या देशांनी कितें घडलां हें मुद्देसूद रितीन 'दी इंग्लीश मीडियम मीथ' ह्या पुस्तकांत भोव बरे रितीन मांडलां.

इंग्लीश ही मायभास वा परिसराची भास नासता आनी मायभास कडेक दवरून भुरगें इंग्लीश भाशेच्या माध्यमांतल्यान शिकता तेन्ना ताचे वायट परिणाम कशे आनी कित्याक जातात तें सानू हांणी सांगलांच. पूण भुरगें देशी संस्कृती पसून तुट्टा, गिन्यानाच्या मळार तें फाटीं पडटा आनी ह्या सगळ्याचो वायट परिणाम राष्ट्रहिताचेर जाता अशे मुद्दे तांणी अणभव, आंकडे, शास्त्र आनी फुडारिल्ल्या देशांनी आपणायिल्लें धोरण हांच्या आदारान मांडल्यात.

भुरगें इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकतकूच इंग्लीश भाशेंत उलोवपाक ताका 'फ्लुएन्सी' साध्य जाता असो एक समज आसा. संक्रांत सानू हांणी म्हणलां, तो गैरसमज. तांणी वास्तवाच्या आनी आंकड्यांच्या आदारान त्या गैरसमाजाचो बोमाडो फोडून उडयला. तांणी मुद्दे मांडल्यात ते पुस्तकांत आसात तशेच इंग्लीश भाशेंत हांगा दिल्यात:

1. Survey results of English Profciency Index (EN) among non-native English speakers worldwide shows India slipping down the rankings fast, even as the number of "English

litcrate" Indians rises.

2. English-medium students without an English-speaking environment outside the classroom cannot express themselves fawlessly either in English or their native mother-tongue.

3. Putting children from non-English-speaking homes into a school enviroment where English is the primary medium of instruction has a stultifying effect on their minds, intellectual confdenc and creativity.

4. Reports show that students studying in "vernacular" Prakrit medium schools who learn English as a second language tend to pick it up much better due to being comfortable in their educational environment, which validates their natural confdence and hands-on attitude.

सानू हांणी इंग्लीश माध्यमा विशींच्या आनिकूय कांय गैरसमजांचेर उजवाड घाला. माध्यम म्हणून मायभास आनी परदेशी भास हांची तुळा केल्या आनी पालक वा सरकारां करतात त्यो चुको सुदारपाचो मार्ग दाखयला. तो दाखोवपाक तांणी भारता सारक्या देशान कितें करूंक जाय हे विशीं खूबश्यो सुचोवण्यो केल्यात. तांणी ह्या विशयाची विस्कावणी करतना माध्यमाच्या विशयाक आनीक एक आयाम जोडला; तो म्हणल्यार अर्थीक आयाम जाचो संबंद राष्ट्राचे उदरगती कडेन आसा. आमी आयज मेरेन चर्चा करीत आयल्यात तातूंत मुद्दे आयल्यात ते-

- शिक्षण शास्त्रीय सिद्धान्ता प्रमाण जायना.
- विद्यार्थ्यांचो फावो तसो आनी फावो तितलो बौद्धीक विकास जायना.
- भुरग्यांचें आकलन आनी प्रकटीकरण आडखळटा.
- पाठांतर जाता; गिन्यान जायना.
- भुरगें देशी संस्कृती पसून तुट्टा.

- भुरग्याचें लुकसाण जाता आनी देशाचेंय लुकसाण जाता.
- भुरगें आत्मविस्वासाक फाटीं उरता; न्यूनगंडाक बळी पडटा.
- भुरग्याच्या व्यक्तिमत्वाचो पुरायेन विकास जायना.

अर्थीक आयाम

सानू ह्या सगळ्या मुद्द्यांची विस्कावणी करतातूच; पूण एक वेगळो आनी म्हत्वाचो मुद्दो मांडटात तो असो की शिक्षणाचें माध्यम म्हणून भाशेचो देशाचे अर्थीक स्थिती कडेन लागींचो संबंद आसता. हो मुद्दो स्पश्ट करपाक तांणी जगांतले 40 देश वेंचून काडल्यात आनी त्या त्या देशांतलें शिक्षणाचें माध्यम आनी राजकारभाराची भास हांचो त्या त्या देशाचे अर्थीक स्थिती कडलो संबंद दाखोवन दिला. तांणी पुस्कांत दिल्यात ते दोन तक्टे ह्या लेखांत दिल्यात. 50 लाख वा चड लोकसंख्या आशिल्लेच देश घेतल्यात. एका तक्ट्यांत जगांतल्या गिरेस्तांतल्या गिरेस्त अश्या 20 देशांचो आसपाव आसा; तर दुसऱ्या तक्ट्यांत दाखयल्यात ते संवसारांतले गरिबांतले गरीब अशे 20 देश. दोनूय तक्ट्यांतल्यान दर एका देशाची अर्थीक स्थिती दाखोवपाक दर मनीस ग्रॉस नॅशनल प्रॉडक्ट (ग्रॉ.नॅ.प्रॉ.) दिला. आंकडे आसात ते डॉलरांचे. मागीर देशांतली लोकभास खंयची ती दाखयल्या. चड भासो आसात थंय त्यो तश्यो दाखयल्यात आनी उपरांत दर एक देश शिक्षणाचें माध्यम आनी राजभास म्हणून खंयची भास वा भासो वापरता तांचीं नांवां दिल्यांत. दोनूय तक्ट्यांतल्यान देशाची तुळा करून सानू निश्कर्श काडटात तो असो की गिरेस्तांतले गिरेस्त अशे जे देश आसात ते लोकभाशेक शिक्षणाचें माध्यम करतात आनी राजकारभाराचीय भास करतात. हाचे उरफाटें, गरिबांतले गरीब अशे जे देश आसात त्या देशांनी, एक-दोन आडवाद सोडले जाल्यार लोकभास एक आसता; तर शिक्षणाचें माध्यम आनी राजभास म्हणून जी भास वापरतात ती दुसरी आसता. असले चडशे देश आदीं साम्राज्यवादी राष्टांच्यो वसणुको आसले. वसातवाद्यांनी थळाव्यो भासो नानपयत केल्यो वा चिड्डून दवरल्यो आनी आपले भाशेक शिक्षणाचें माध्यम केली आनी राजभास केली.

गिरेस्तांतले गिरेस्त देश			
क्र. देश	दर मनीस ग्रॉ.नॅ.प्रॉ. (डॉलरांनी)	लोकभास	माध्यम आनी राजभास
1. स्वित्झर्लंड	38,380	जर्मन/फ्रेंच/इटालियन	जर्मन/फ्रेंच/इटालियन
2. डॅन्मार्क	32,050	डॅनीश	डॅनीश
3. जपान	32,030	जपानी	जपानी
4. अमेरिका	31,910	इंग्लीश	इंग्लीश
5. स्वीडन	26,750	स्विडीश	स्विडीश
6. जर्मनी	25,620	जर्मन	जर्मन
7. ऑस्ट्रिया	25,430	जर्मन	जर्मन
8. नॅदरलॅंड्स	25,140	डच	डच
9. फिन्लॅंड	24,730	फिन्नीश	फिन्नीश
10. बेल्जियम	24,650	डच/फ्रेंच	डच/फ्रेंच
11. फ्रान्स	24,170	फ्रेंच	फ्रेंच
12. इंग्लंड	23,590	इंग्लीश	इंग्लीश
13. ऑस्ट्रेलिया	20,950	इंग्लीश	इंग्लीश
14. इटली	20,170	इटालियन	इटालियन
15. कॅनडा	20,140	इंग्लीश/फ्रेंच	इंग्लीश/फ्रेंच
16. इझ्रायल	16,310	हिब्रू	हिब्रू
17. स्पेन	14,800	स्पॅनीश	स्पॅनीश
18. ग्रीस	12,110	ग्रीक	ग्रीक
19. पुर्तुगाल	11,030	पुर्तुगेज	पुर्तुगेज
20. द. कोरिया	8,490	कोरियन	कोरियन

गोंय जशें पुर्तुगाली वसाहत आशिल्लें तशेंच आफ्रिकेंतले आंगोला आनी मोझांबीक हे देश पुर्तुगालाच्यो वसणुको आशिल्ले. ते देश स्वतंत्र जावन खूब वर्सां जालीं; तरी थंय राजभास आनी शिक्षणाचें माध्यम म्हणून पुर्तुगेज भास शेक गाजयता आनी हे देश जगांतल्या गरिबांतल्या गरीब देशां मदीं आसात. सानू हांच्या मता प्रमाण हे देश अशे गरीब उरल्यात ताचीं आनिकूय कारणां आसलीं तरी परदेशी भाशेचो शेक हें एक म्हत्वाचें कारण आसा. तांचें म्हणणें अशें की थळाव्यो भासो चिड्डून उरिल्ल्यान आनी परदेशी भासांचो शेक चालू उरिल्ल्यान लोक फाटीं उरला. तांची बौद्धीक उदरगत जावपाक पावूंक ना आनी परिणामीं तांचे देश गरीब उरल्यात. फाटीं उरल्यात. ह्या मुद्द्याक आदार म्हणून सानू आनीक एके गजाली कडेन नदर ओडटात. ती गजाल म्हणल्यार आशियांतल्या 1000 मोट्या भौराष्ट्रीय कंपन्यां मदल्यो 792 कंपन्यो जपान, कोरिया आनी चीन ह्या तीन देशांतल्यो. ह्या देशां मदलो खंयचोच देश शिक्षणाचें माध्यम वा राजभास म्हणून इंग्लीश वापरिना. आपलीच भास वापरता. ह्यो कंपन्यो मोटारी धरून इलॅक्ट्रॉनीक उपकरणां मेरेन तरेकतरांचें उत्पादन करतात. होंडा, टोयोटा, सोनी, सॅमसंग ह्यो तातूंतल्यो कांय कंपन्यो. (भारतांत असल्यो कंपन्यो फकत 20) भारतांत शिक्षणा विशींचें आनी भोव करून माध्यमा विशींचें धोरण थारायतना केंद्र सरकारान आनी राज्य सरकारांनी हो मुद्दो गरजेचो आनी म्हत्वाचो म्हणून लेखूंक जाय.

१०२०

गरिबांतले गरीब देश

क्र.	देश	दर मनीस ग्रॉ.नॅ.प्रॉ. (डॉलरांनी)	लोकभास	माध्यम आनी राजभास
1.	कोंगो (डीआरसी)	100	लिंगाला किंग्वाना	जर्मन/फ्रेंच/इटालियन
2.	इथियोपिया	100	आम्हारीक	आम्हारीक
3.	बुरूण्डी	120	किरुण्डी स्वाहिली	फ्रेंच, किरुण्डी
4.	सियेर्रा लियॉन	130	मेण्डे, टेम्न, क्रियो	इंग्लीश
5.	मालावी	180	चिचेवा	इंग्लीश/चिचेवा
6.	नायगर	190	हावसा, जेर्मा	फ्रेंच
7.	च्याड	210	सारा, अरॅबीक	फ्रेंच/अरॅबीक
8.	मोझांबीक	220	इमाखुवा, शिचांगाना	पुर्तुगेज
9.	नेपाळ	220	नेपाळी	नेपाळी
10.	माली	240	बांबारा	फ्रेंच
11.	बुर्किना फासो	240	सुदानी भासो	फ्रेंच
12.	रवाण्डा	250	किन्यारवाण्डा फ्रेंच/इंग्लीश	किन्यारवाण्डा/
13.	मादागास्कार	250	मालागासी	फ्रेंच/मालागासी
14.	कंबोडिया	260	ख्मेर	ख्मेर/फ्रेंच
15.	टान्झानिया	260	स्वाहिली	इंग्लीश/स्वाहिली
16.	नायजेरिया	260	हावसा, युरुबा, इग्बो	इंग्लीश
17.	आंगोला	270	बान्तू	पुर्तुगेज
18.	लाओस	290	लाओ	लाओ/फ्रेंच/इंग्लीश
19.	टोगो	310	इवे, मिना	फ्रेंच
			काबिये, डोगॉबा	
20.	युगांडा	320	गांडा, लुगांडा	इंग्लीश

राष्ट्रीय हिताचो विशय

शिक्षणाचो हावेस फकत एक भास वा चड भासो बरोवंक आनी वाचूंक शिकप असो नासता. फकत गिन्यान मेळोवप इतलोच हेतू आसता अशेंय नासता. शिक्षणाचो संबंद शिकतल्याचेर संस्कार घडोवपा कडेन आसता; ताच्या व्यक्तिमत्वाची उदरगत घडोवपा वांगडाच सांस्कृतीक उदरगत घडोवपा कडेन आसता; ज्या राष्ट्राचो तो वा ती नागरीक जावपाचीं आसात त्या राष्ट्राच्या हिता कडेन आसता आनी ज्या ज्या क्षेत्रांचो संबंद राष्ट्रहिता कडेन येता त्या त्या क्षेत्रां कडेन शिक्षणाचो संबंद आसता. संक्रात सानू आनी तांचें पुस्तक 'दी इंग्लीश मीडियम मीथ' हांचे विशीं हांवें सांगलां. शिक्षणाचो बौद्धीक विकासा कडेन संबंद आसता आनी राष्ट्राचो अर्थीक विकास आनी नागरिकांचे बुद्दीचो विकास हांचो लागींचो संबंद आसता हें सानू हांणी भोव बरे रितीन दाखोवन दिलां. शिक्षणाचें म्हत्व ह्या संबंदां वयल्यान कळटा आनी तें सारकें समजून घेवप हें पालकांचें कर्तव्य थारता. एके परीन भुरग्याचो फुडार पालकांच्या हातांत आसता. पालकांची चूक ही भुरग्यांचें लुकसाण करताच, पूण समाजाचें आनी राष्ट्राचेंय लुकसाण करता. मुळावें शिक्षण ही फुडल्या शिक्षणाची बुन्याद. ती घटमूट जाली ना जाल्यार फुडलें शिक्षण आडखळटा वा सारकें जायना. हेच खातीर पालकांनी चड जतनाय घेवंक जाय ती माध्यम आनी शाळा थारायतना. ती तांची परिक्षाच आसता. ते परिक्षेंत ते पास जाले जाल्यार भुरग्याच्या शिक्षणाक योग्य दिशा मेळून ताचें बरें जाता. आनी पालक नापास जाले जाल्यार ताचे वायट परिणाम भुरग्याक, समाजाक आनी राष्ट्राक भोगचे पडटात.

भारत सरकार आयोग नेमून राष्ट्रीय शिक्षण धोरण थारायत आयलां तें हेंच मतींत धरून. प्रगत आनी एकभाशी राष्ट्रांनी घडये हें सहज घडलां. आमच्या देशांत प्रयत्नपूर्वक घडलां. ताचीं दोन मुखेल कारणां आसात. एक- आमचो देश भोवभाशीक; इझ्राएलाची हिब्रू ही राष्ट्रभास आसा तशी आमच्या देशाक राष्ट्रभास ना. हिंदी ही केंद्र सरकाराची राजभास,

संविधान तिका राष्ट्रभाशेच्ची सुवात दिना. देशाची एक राष्ट्रभास आसची असो विचार महात्मा गांधी स्वतंत्रतायेचे चळवळींत मांडटाले. देश स्वतंत्र जातकूच घटना समिती जेन्ना संविधान तयार करूंक बसली तेन्ना राष्ट्रभाशेचो मुद्दो चर्चेक आयलो. पूण वांगड्यांचें एकमत जालें ना. ते चर्चेंतल्यानूच मागीर हिंदी ही केंद्राची राजभास करपाचो आनी दर एका राज्याक आपली राजभास थारावपाचो अधिकार दिवपाचो प्रस्ताव आयलो आनी तो मान्य जावन संविधानांत तशी तजवीज केल्या. दुसरें कारण- आमचो देश 150 वर्सां ब्रिटिशांची वसाहत म्हणून जगलो. ब्रिटीशांनी आपल्या सुवार्था खातीर शिक्षणांत आनी राजकारभारांत इंग्लीश हाडली. स्वतंत्र्या उपरांत देशाच्या हिता खातीर जे बदल जावंक जाय आसले ते जाले नात वा जे गतीन ते जावंक जाय आसले ते गतीन जाले नात. परिणामीं, इंग्लीश भाशेचो प्रभाव शिक्षणांत आनी राजकारभारांत उरला. आमकां असले प्रभाव रोखडेच आळाबंदा हाडूंक येना; आमी तीच परंपरा रीत वा फॅशन म्हणून आपणायतात. गोंयकारां विशीं सांगचें जाल्यार, पुर्तुगेजांचो शेक सोंपलो तरी कितलींशींच वर्सां माया म्हयन्याच्या उबाळांत सूट घालून आनी टाय मारून भोंवपी गोंयकार आशिल्ले! ते लग्न सुवाळ्यांनीय दिसताले आनी कांय खेपो आयण्यान वारो घेतनाय दिश्टी पडटाले! हें आंधळें अनुकरण. तेंच शिक्षणाच्या मळारूय धुमशेण कांडटा.

संवसारीक पांवड्यारूय शिक्षणाच्या माध्यमा संबंदान विचार-अभ्यास जाला. तो राजकारण्यांनी करूंक ना, तर शिक्षणतज्ञ आनी बालमानसशास्त्रज्ञ हांणी केला, युनॅस्कोच्या फुडाकारान. युनॅस्को ही संयुक्त राष्ट्र संघाची शिक्षण, विज्ञान आनी संस्कृताय ह्या मळांचेर वावुरपी संस्था. हे संस्थेन जाहीर केल्लें एक मार्गदर्शक तत्व संक्रांत सानू हांणी आपल्या पुस्तकांत दिलां तें अशें-

> UNESCO guidelines specially say:
>
> It is axiomatic that the best medium for teaching a child is his mother tounge. Psychologically,it is the system of meaningful

signs that in his mind works automatically for expression and understanding. Sociologically, it is a means of identifcation among the members of the community to which he belongs. Educationally, he learns more quickly through it than through an unfamiliar linguistic medium" and "... the use of mother tounge be extended to as late a stage of education as possible."

लाब आनी अडचणी : एक तुळा

माध्यम थारावप ही पालकांची परिक्षा आसली तरी ती तशी कठीण न्हय. फॅशनीचें पिशें आनी कांय गैरसमज कडेक दवरून मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम म्हणून मायभास आनी इंग्लीश हांच्या परिणामांची तुळा केली जाल्यार योग्य दिशा मेळपाक वेळ लागना. ते तुळेनूच ह्या विशयाचो समारोप करपाचो आसा. आतां मेरेन जे मुद्दे मांडल्यात तांच्या आदारान ही तुळा केल्या.

माध्यम : मायभास

लाब :

- मायभाशेंत सांगिल्लें वा शिकयल्लें समजून घेवप भुरग्याक सोपें जाता.
- समजल्ल्यान ताका पाठ करपाची गरज पडना. ताका विशय समजून घेवपाची संवय जाता आनी तें खरें शिक्षण जाता.
- मायभाशेंत उलोवपाची सवंकळ आशिल्ल्यान जें समजलां तें उक्तावपाक भुरग्याक सोपें जाता. भाशेक लागून वा उतरावळीक लागून तें आडखळून उरना. भास चुकता ह्या भंयान वा लजेन तें मोनें रावना.
- सांगिल्लें वा शिकयल्लें समजता आनी तें उक्तावपाक येता, म्हणल्यार विचारिल्ल्या प्रस्नाची जाप दिवप सोपें जाता. ह्या अणभवांतल्यान भुरग्याच्या मनांत आत्मविश्वास रिगता आनी पिराय

वाडटा तसो तो आत्मविश्वास वाडत वता.

• हो आत्मविश्वास भुरग्याक फुडलें शिक्षण घेवपाक बऱ्याक पडटा.

• समजून घेवपाची संवय आनी आत्मविश्वास हांकां लागून भुरग्याचे बुद्दीचो विकास योग्य दिशेन आनी योग्य तरेन जाता आनी ताचो ताका शिक्षणाच्या फुडल्या पावंड्यांचेर उपेग जाता.

• भुरगें आपले बुद्दीन विचार करूंक शिकता आनी ताचें परसुवादीनपण इल्लें इल्लें उणें जाता. कांय भुरगीं पालकांचो पालव नासतनाय बरीं शिकतात तीं अशीं.

• भुरग्याक मायभास बरी येतकूच तें हेर खंयचीय भास सोपेपणान शिकूंक पावता. चार यत्ता मायभाशेच्या माध्यमांतल्यान शिकतकूच पांचवेक इंग्लीश भाशेच्या माध्यमांतल्यान शिकपाक ताका चड कश्ट पडनात. तें भुरगें हेर भासो थोड्याशा प्रयत्नान शिकूंक पावता आनी अशे तरेन भोवभाशीक जावप ताच्या फायद्याचें आसता. देखीक, कोंकणी माध्यमांतल्यान शिकपी भुरगें नागरी लिपी शिकता. भारतांत उण्यांत उण्यो 12 भासो नागरी लिपी वापरतात. लिपी येता म्हणटकूच त्यो भासो शिकप सोपें जाता. कोंकणी माध्यमांतल्यान शिकपी भुरगें थोड्याशा प्रयत्नान हिंदी, मराठी ह्यो भासो शिकूंक पावता.

• भुरग्याचीं पाळांमुळां ताचे निजाचे संस्कृतायेंत रोमून उरतात. तें संस्कृतीभ्रश्ट जायना. निजाचे संस्कृतायेंत उरिल्ल्यान तें आपले संस्कृतायेंत सोपेपणीं समरस जावंक पावता. ताका सामाजीक-सांस्कृतीक सरभोंवतण बरे तरेन समजूंक पावता. ताचो स्वाभिमान चेपना वा मोडना.

अडचण

• ह्या भुरग्याक अडचण आयलीच जाल्यार ती पांचवे यत्तेंत माध्यम बदलतना. पूण पयल्या चार यत्तांनी तें इंग्लीश भास एक विशय म्हूण शिकता. चवथेक पावता तेन्ना ताका इंग्लीश भास वाचूंक, बरोवंक येता, इंग्लीश उतरावळीची सवंकळ जाता. हाका लागून अडचणीचेर ताच्यान सोपे रितीन जैत मेळोवं येता. हाचे भायर, ताका पांचवे-सवेंतली नवी

उतरावळ आदींच शिकयली जाल्यार माध्यमबदल अदीक सोपो जावंयेता.

माध्यम : इंग्लीश

लाब :

पयले यत्ते पसून इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकपी भुरग्याक एकूच लाब मेळटा तो इंग्लीशींत उलोवपाची संवय ताका बेगीन जाता. पूण ती इंग्लीश शुद्ध वा बरी आसताच अशें मात नासता. दुसरें, भुरगें इंग्लीशींत पिटपिटीत (फ्लुएण्ट) उलयलें म्हणून तें हुशार जालें अशेंय नासता. संवय वा सक्ती केल्ल्याचो तो परिणाम.

अडचणी :

● परकी भाशेंतल्यान सांगिल्लें वा शिकयल्लें कंवळे पिरायेच्या भुरग्याक सारकें समजूंक पावना. आकलन उणें जाता.

● निकतीच शिकयतात ती भास परकी आनी उतरावळ उणी हांकां लागून जें समजलां तें पसून तें भुरगें उक्तावपाक पावना. ताचें प्रकटीकरण आडावता वा आडखळटा.

● सारकें समजना आनी समजलां तें उक्तावंक येना. हाका लागून भुरगें प्रस्नांच्यो जापो दिवंक पावना वा सारक्यो दिवपाक ताका जमना. तें घुस्मट्टा.

● उपाय नासून भुरगें पाठांतराचो मार्ग आपणायता. विशय समजनासतना फकत पाठ करता. पाठांतर सारकें जालें ना जाल्यार भुरगें गडबडटा, गोंदळटा.

● हे परिस्थितींत भुरग्याचो आत्मविश्वास जागो जावंकूच पावना. ताची वाड एका कृत्रीम वातावरणांत जाता. त्या वातावरणांत कुडीची, बुद्‌दीची वाड आडावता.

● शाळेच्या वाठारांत आनी घरांत इंग्लीश उलोवपाची सक्ती जाल्ल्यान भुरग्याक मायभास सारकी येना. हेर भासोय येनात. इतलेंच न्हय, तर ताचे मदीं न्यूनगंड रिगता- मायभाशे विशीं आनी जें जें निजाचें, देशी ताचे विशीं.

• भास ही संस्कृतायेचें वाहन वा बुन्याद आसता. ती चिड्डून दवरतकूच भुरगें देशी संस्कृतायेंतल्यान हुमटता. दुसऱ्या कोणाचें तरी अनुकरण करपाची ताका संवय लागता. तें संस्कृतीभ्रश्ट जाता.

• भुरग्याचो बौद्धीक विकास जावंक पावना. ताचो सांस्कृतीक विकासूय आडखळटा.

• कांय भुरगीं घुस्मटून दीस काडटात आनी एक दीस अर्द्यारूच शाळा सोडटात. कांय जाणां धावे मेरेन पावतात, पूण पास जायनासतना उरतात.

• असलीं भुरगीं नागरीक जातात तेन्ना राष्ट्राचे उदरगतीक हातभार लावंक पावनात.

आडवाद आसतात. मुळांतूच हुशार आशिल्लीं भुरगीं आडखळी हुपूंक पावतात. अडचणी भोगतात तीं सर्वसामान्य भुरगीं आनी मोटो आंकडोय आसता तो तांचोच.

दोन माध्यमांची ही तुळा. जे पालक भुरग्याचें हीत आनी ताचो फुडार हे म्हत्वाचे मुद्दे अशें लेखतात त्या पालकांक योग्य दिशा रोखडीच मेळटली. जे पालक चुकतले तांच्या चुकांचे परिणाम बाबड्या भुरग्यांक भोगचे पडटले.

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) ★
Mangaluru
7020
Gen-) Dev
UDA

मनशाचे उदरगतीक जशें शिक्षण म्हत्वाचें तशेंच शिक्षणाच्या मळार मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम म्हत्वाचें. ते विशींचे मुद्दे, विचार आनी मतां हे पुस्तिकेंत आसात. माध्यमा विशींचे मुद्दे आनी विचार पालकां मेरेन पावोवपाची आनी तांणी ते समजून घेवचे म्हूण यत्न करपाची खूब गरज आसा. ह्या यत्नांतलें पयलें पावल म्हूण लेखांच्या रूपान मांडिल्ले विचार पुस्तिकेच्या रूपान उजवाडाक हाडप. त्याच हावेसान ही पुस्तिका उजवाडाक हाडला. पालकांनी आनी साबार नागरिकांनी तिचो लाब घेवचो अशें म्हजें मागणें.

- नारायण रा. मावजो